*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*<u>सरकारी पत्रक</u>*

**ईडीसीतल्या "इग्नायट" ह्या इन्क्युबेशन सेंटराची तांक वाडयली**

ता. 6 डिसेंबर 2019

पणजेच्या ईडीसीतल्या " IGNITE" ह्या इन्क्युबेशन सेंटराची आसन तांक वाडोवन 100 आसनांची केल्या. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज विस्तारीत "IGNITE NX" चे उकतावण केले. ईडीसी इमारतीच्या पाचव्या माळयेर आशिल्ल्या केंद्रातल्या आसनांची तांक 78 आशिल्ली. ह्या वेळार मुळावीं सोपेपणां आनी तांत्रिकी सुविधांचे दिवप-घेवप करपा खातीर ईडीसी आनी गोंय अभियांत्रिकी महाविद्यालया मजगती समजीकाय करार जालो.

ईडीसीचे अध्यक्ष श्री. सदानंद तानावडे, संचालक श्री. संदीप भंडारी, वेवस्थापकीय संचालक श्री. किरण पालेकर, गोंय अभियांत्रिकी महाविद्यालयाचे प्राचार्य डॉ. कृपाशंकर हे ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्र्यान इन्क्युबेशन सेंटराची आसन तांक वाडयिल्ल्या खातीर ईडीसीच्या मंडळाचे अभिनंदन केले. केंद्राची आसन तांक वाडोवपाची गरज आशिल्ली आनी ती वाडयिल्ल्यान गोंयच्या स्टार्ट-अप वेवसायिकांखातीर वरदान थारतले, अशें सांगले. तशेंच तांणी आर्थिक विकास महामंडळाक आपल्या येवजणांविशीं ग्रामीण वाठारांत जागृताय करपाक सांगले. युवकांनी आपलो वेवसाय सुरू करपा खातीर सकारात्मक दृश्टीकोन बाळगूपाक जाय. तांणी सरकारच्या येवजणांचो बरो उपेग करून घेवपाक जाय. स्टार्टअप च्या माध्यमातल्यान येणाऱ्या दोन वर्सांत पाच हजार नोकऱ्यो तयार जातल्यो आनी त्या खातीर ईडीसी आनी हेर महामंडळांनी अश्यो साधनसुविधां निर्माण करपाक फुडाकार घेवपाक जाय. गोंय रोखडेच आयटी मळार फुडारलेले राज्य जातले, अशेंय मुख्यमंत्र्यान म्हणले.

सुरवेक श्री. पालेकर हांणी उपस्थितांक येवकार दिलो. श्री. तानावडे हांणीय ह्या वेळार आपले विचार मांडले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/829

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA